**राज्य पांवड्याचेर 63 वो शिक्षक दीस मनयलो**

**मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं मुख्यमंत्री वशिश्ठ गुरू पुरस्कार भेटयले**

ता. 5 सप्टेंबर 20234

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज शिक्षण संचालनालयान पणजे कला अकादमीच्या मा. दिनानाथ मंगेशकर कला मंदीरात आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या 63 व्या शिक्षक दीस सुवाळ्यात शिक्षण क्षेत्रातल्या उत्कृश्ट वावराखातीर 7 शिक्षकांक मुख्यमंत्री वशिश्ठ गुरू पुरस्कार-2023-24 भेटयले.

सुवाळ्यात उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी समाजाचे शिल्पकार म्हूण शिक्षकांची भुमिका म्हत्वाची आशिल्ल्याचें सांगून शिक्षकांनी आपल्या शिकवणीचो दर्जो वाडोवपा खातीर आपल्या गिन्यानात सतत भर घालपाची गरज उक्तायली. मुख्यमंत्र्यान कोडिंग आनी रोबोटिक्सात आंतरराष्ट्रीय मळार प्रतिनिधीत्व केल्ल्या गोंयच्या विद्यार्थ्यांचे अभिनंदन केले आनी विद्यार्थ्यांक योग्य मार्गदर्शन मेळ्ळे जाल्यार ते आपल्या जीणेत नक्कीच यसस्वी जातले, अशें म्हणले.

शिक्षक समाजात परिवर्तन घडोवन हाडपाक शकता. स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमाचे उद्दीश्ट पुर्ण करपा खातीर शिक्षकांचे योगदान म्हत्वाचे आसा, अशेंय तांणी म्हणलें.

शिक्षण सचीव श्री. प्रसाद लोलयेकर हांणी आपल्या भाशणात विद्यार्थ्यांचो फुडार घडोवपाक शिक्षकांची भुमिका म्हत्वाची आशिल्ल्याचे सांगून विद्यार्थ्यांची प्रगती हे शिक्षकांचे यस आशिल्ल्याचें म्हणलें.

सुवाळ्यात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं महेश चंद्रकांत कशाळकर, सरकारी मुळावी शाळा, मोपा पेडणे, प्रतिमा प्रकाश प्रभू गांवकर, सरकारी मुळावी शाळा, महालवाडो पैगीण काणकोण, सुधीर तुकाराम नाईक, सातेरी विद्या मंदीर, इब्राम्पूर पेडणे, ज्योती व्यंकटेश सिनारी, रमाकांत नाईक मेमोरियल सरकारी हायस्कुल, तारामाता सुर्ला, दिवचल, शिरिषकुमार विनायक आमशेकर, एसएसएम स्वस्तिक विद्यालय, प्रियोळ म्हार्दोळ, शिरीष श्रीरंग भिडे, वसंतराव धेंपो कला, विज्ञान आनी वाणिज्य उच्च माध्यमिक विद्यालय, कुजीरा बांबोळी आनी विठ्ठल अंकुश पार्सेकर, डॉ. आंबेडकर हायर सेकंडरी स्कुल, कोळवाळ बार्देस हांका मुख्यमंत्री वशिश्ठ गुरू पुरस्कार भेटोवन तांचो सन्मान केलो.

सुरवातीक शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी येवकाराचे उलवप केले.

एससीईआरटी च्यो संचालक श्रीमती मेघना शेटगांवकर, गोवा समग्र शिक्षा अभियानाचे राज्य प्रकल्प संचालक डॉ. शंभू घाडी, हेर अधिकारी, शिक्षक आनी विद्यार्थी कार्यक्रमाक हजर आसिल्लें.

श्री. सुभाष जाण हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. उपसंचालक श्रीमती सिंधू प्रभूदेसाय हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/474

--

---------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.